PANAJI NATIONAL 14.10.2026 @ 6.30 PM

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां व्हिडियो कॉन्फरन्सिंग वरवीं लद्दाखांत सुमार 3,350 कोटी रुपयाच्या पांच व्हड उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण करतले आनी  लोकार्पण करतले. जोडणी घटमूट करप, वीज मुळावी बांदावळ सुदारप, सांस्कृतीक दायज सांबाळप आनी वाठारांत उदकाची सुरक्षीततताय वाडोवप हो प्रकल्पांचो हेत आसा. तशेंच लेहच्या कुशोक बकुला रिंपोची विमानतळार 640 कोटी रुपया खर्चान बांदिल्ल्या नव्या प्रवासी टर्मिनल इमारतीचें उक्तावण प्रधानमंत्री करतले.

शांतताय, स्थिर आनी उक्त्या भारत-पॅसिफिक वाठारांत भारत आनी आशियाई हांचे सादारण हितसंबंद आसात अशें संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी  भर दिला. आयज सकाळीं नवी दिल्लींत जाल्ल्या आसियान-भारत संरक्षण थिंक टँक मंचात उलयताना सिंग हांणी सांगलें की आसियान भारताच्या भारत-पॅसिफिक दृश्टीकोनाच्या मुळाक आसा आनी भारताचें एक्ट ईस्ट धोरण हे आग्नेय आशिया वांगडा समान भागीदार म्हूण काम करपाची एक दीर्घकालीन वचनबद्धताय आसा

फाटल्या चार वर्सांत भारतान 38 विकसीत देशां कडेन ‘प्राधान्य वेपार कबलात’ केल्यात अशें वाणिज्य मंत्री पीयूष गोयल हांणी सांगलां. नवी दिल्लींत जाल्ल्या ‘ब्लूमबर्ग न्यू इकोनॉमी फोरमात उलयतना गोयल हाणी म्हणले की, जागतिक भागीदारांखातीर देशाची बाजारपेठ उक्ती करतानाच भारतीय उद्योगांखातीर बाजारपेठेतल्या  संधींचो  विस्तार करपाचे भारताचे उद्दिष्ट आसा. २०१४ आदीं भारतान ज्या अर्थवेवस्थे कडेन वेपार कबलात केल्ली , तांचो एकत्रीत जीडीपी सुमार १० ट्रिलियन डॉलर आशिल्लो; आतां ती वाडून सुमार 70 ट्रिलियन डॉलर जाल्या. गोयल हांणी फुडें सांगलें की भारत कॅनडा, मेक्सिको, मर्कोसूर, युरेशिया आनी हेर

जायत्या देशां कडेन वेपारी कबलातीचेर वाटाघाटी करता. भारत विश्वासाई भागीदारी सोदता हाचेर तांणी भर दिलो.Byte पीयूष गोयल

केंद्रीय मंत्रीमंडळान आयडीबीआय बँकेच्या धोरणात्मक पुनर्रचनेक मान्यताय दिल्या. केंद्रीय मंत्रीमंडळ बसके उपरांत प्रसार माध्यमांक म्हायती दितना म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलें कि , एमएसएमई आनी नव्या उद्देगांची वाड करपाक बँकेची म्हत्वाची भुमिका आसा. बँके खातीर धोरणात्मक भागीदार वेंचून काडला आनी ताच्या आदारान ताजें भांडवल घालतले अशी म्हायती तांणी दिली. पुनर्रचना केल्ल्या संस्थांत भारत सरकार आनी एलआयसी 34 टक्के हिस्सो राखतले अशें वैष्णव हांणी सांगलें

भारत आणि कॅनडा यांच्या संबंधा खातीर परस्पर समजूत आनी स्वहित हाची महत्वाची भूमिका आसतली अशें परराश्ट्र मंत्री डॉ. एस जयशंकर हाणी म्हणला. नवी दिल्लींत जाल्ल्या ब्लूमबर्ग न्यू इकॉनॉमी फोरमात उलयतना ताणी भर दिलो कि धमक्यो दिवून हेर देशांचेर अटी लादपाचे युग आता सोपला.ताणी संवसार नव्या आंतरराष्ट्रीय वेवस्थे कडेन वाटचाल करता, जंय संवसारीक वेव्हारांत वेगवेगळ्या देशांची चड भुमिका आसतली अशें तांणी नदरेक हाडलें.

मजगती फाल्यां नवी दिल्लींत आशियाई खेळां 2026 सर्तींत वांटो घेवपी भारतीय पंगडा कडेन प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी संवाद सादतले. प्रधानमंत्रीय ह्या निमतान तांचे कडे उलयतले.

भारतीय हवामान खात्यान आयज जम्मू-काश्मीर, लद्दाख, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकल हांगा व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास काडला. राजस्थान, विदर्भ, हिमाचल प्रदेश, केरळम, दक्षिण कर्नाटक, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी

कराईकल हांगा वीज आनी  गडगड येवपाची शक्यताय आसा. हाचे भायर दर्यादेग कर्नाटक, कोंकण आनी गोंयांतलें हवामान उश्ण आनी दमट उरतलें असो अदमास हवामान खात्यानय उक्तायला.